०४-०७-२०२५

सकाळी - ७.२५

प्रादेशिक खबरो

जनभागीदारी अभियान 200

देशांतल्या आदिवासी गांवांची उदरगत करपाखातीर केंद्र सरकारान केंद्रीय आदिवासी कल्याण मंत्रालयावतीन ७९ हजार कोटींची तजवीज केल्या अशी म्हायती केंद्रीय आदिवासी कल्याण मंत्री ज्युअल ओरम हांणी दिली.
धरती आबा जनभागीदारी अभियान या येवजणेचे आयज साग्या मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत ह्यांचे हजेरेत तांच्या हस्तुकीं उक्तावण जाले तेवेळार ते उलयताले. Byte. देशात वट्ट ६३ हजार आदिवासी गाव आसात. ह्या गांवांची उदरगत करपाखातीर केंद्र सरकारान वेगवेगळ्यो येवजणो चालीक लायल्यात. तातूंत गोयच्या २५ गांवांचो आस्पाव आसा अशे तांणी सांगलें.
आदिवासी लोकांच्यो भलायकीच्यो समस्या, तांची संस्कृती आनी हेर संबदीत गजालींचो अभ्यास करपा खातीर सांग्यार पयले आदिवासी संशोधन केंद्र सुरू केला. तशेंच फर्मागुडी हांगाचें आदिवासी संग्रहालय रोखडेच पुराय जातले.
सरकारान आदिवासी कारागिरांक कुणबी साडी, शाल, जॅकेट आनी हेर उत्पादनांची विक्री करपा खातीर एक माची उपलब्ध करून दिला. सरकारान आता मेरेन 3500 रान हक्क सनदी दिल्यात. उरिल्ले रान हक्क दावे निकालात काडपा खातीर सरकारचे नेटान प्रयत्न चालू आसात. 19 डिसेंबर 2025 मेरेन सगळ्यो सनदी दिवपाचे थारायला अशें मुख्यमंत्र्यानी सांगलें.
ह्या सुवाळ्याक गोंयचे समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय, सभापती रमेश तवडकार, राज्यसभा खासदार सदानंद तानावडे, सांगेचे आदले आमदार वासुदेव गावकार तसेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं विद्यार्थ्याक लॅपटॉप, शेतकारांक कृशी कार्डा हेशिवाय रान अधिकार कायद्याखाला जमिनीच्यो सनदी, अटल आसरा, विद्यालक्ष्मी, लाडली लक्ष्मी अशा येवजणांखाली धनादेश आनी मंजुरीपत्रां वांटली.

सुटी - 130

सेगीत पडपी उट्टगरांच्या पावसाक लागून गोंय शिक्षण संचालनालयान आयज शुक्रारा शाळाक एका दिसाची सुटी जाहिर केला. हे विशी काल शिक्षण संचालनालयान परीपत्रक काडला. पुर्व प्राथमिक, पासुन प्राथमिक आमनी उच्च माध्यमिकाकातीर ही सुटी आसतली अशे ह्या परीपत्रकात म्हणला. पणजी वेधशाळेन काल आनी आयज राज्यात उट्टगराच्या पावसाच्या फांटभुयेंर ओरेंन्ज अलर्ट जारी केला. हाका लागून शिक्षण खात्यान फाल्या शाळांक सुटी दिवपाचो निर्णय घेतला. शाळांनी वचपी ल्हान भुरग्यांची सुरक्षीतताय मतींत दवरून, सुटी जाहीर करपाचो निर्णय सक्षम अधिकारीणीन घेतला. ही सुटी फकत विद्यार्थ्यां आनी शिक्षकां खातीर आसा अशेंय ह्या परीपत्रकावरवी स्पश्ट केलां. प्रशिक्षण कार्यावळीक नेमिल्ल्या शिक्षकानी मात प्रशिक्षण थळार वचून कार्यावळ पुराय करची पडटली अशे हांतूत म्हळां.

अभय ओक -

न्यायालयात दाद मागपी मनशांक न्याय मेळोवन दिवप महत्वाचे. हे करताना न्यायाधीशाचेंर व्गड व्हड व्यक्तीमहत्वाकडल्यान चेपण येंवक शकता, मात तांचो परीणाम निवाड्याचेरं जावपाक जायना, आपणे कायद्याचो पेशा स्विकारताना किते शपथ घेतला ताचो विसर ह्या पशएत काम करपी न्यायधीशांनी तशेंच आदवागादांनी विसरुक जायना अशे मत सर्वोच्च न्यायलयाचे निवृत्त न्यायधीश अभय ओका हांणी व्यक्त केला.

सर्वोच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश जस्टीस एच. आर खन्ना हाच्या यादस्तिक The Goa high court bar association वतीन आयज पर्वरी मुंबय उच्च न्यायलयाच्या गोंय खंडपिठाच्या आदावाद सभाघरात आयोजित केल्या चर्चासत्र कार्यावळीत भारतीय न्यायवेवस्थेचे स्वातंत्र्य ह्या विशयाचेंर ते उलयताले.

भारताक स्वातंत्र मेळुन ७५ वर्सा जाली, मात आजुनुय नागरीकांक तांच्या मुलभुत हक्काखातीर न्यायालयात दाद मागुंग येवची पडटा. तांका न्याय मेळटलो हांची जवाबदारी ह्या पेशात काम करपी मनसांची आसा. आपल्या परजळीत फुडाराखातीर गैरवागणुकीन आनी चेपणासकयल वच्न निवाडे दिवच्यापरस ,आपणे हो पेशा स्वीकारताना किते शपथ घेतला , ताचेप्रती काम

करुन समाधान मानप हे सगल्यात महत्वाचे अशे निवृत्त न्यायाधीश अभय ओक हांणी म्हणला.

व्यक्तीमहत्व स्वातंत्र्याआड येवप्याचेरं कडक कारवाय जावप ही आयच्य काळाची गरज,भारतीय संविधानांची मुल्या जपुन दवरपाखातीर ह्या दिखेन काम जावप गरजेचे आसा अशें तांणी म्हणला.

ह्या कार्यावळीक राज्यपाल पी. एस श्रीधरन पिल्लय मुकेलसोयरे म्हण हाजीर आशिल्ले. ह्यावेळार तांणी भारतीय संविधानाविंशी उलोवप केले.

Goa state athletic championship

The goa athletic association , गोंय खेळा प्राधिकारणाच्या जोडपालवान ७ ते ९ ऑगस्ट ह्या काळात पद्मभुशण मनोहर पर्रीकार यादस्तिक ५६ वी goa state athletic championship 2025 आयोजित केल्या. हांतुन long jump, high jump, triple jump, shot put, discus throw, javelin throw, hammer throw, relay race, ह्या खेळांचो आसपाव आसतलो.

जाल्यार ही championship –8, 10, 14, 16, 18, 20 वरसा सकयल्या वयोगटासयत, उक्त्या वयोगटाखातीर आयोजित करतले. शाळा , म्हाविद्यालया, खेळांचे क्लब,सरकारी खाती, तशेंच राज्यातल्या हेर खेळगड्याखातीर ही सर्त उक्ती आसा सर्तकानी तांची नोंदणी www.goaathletics.com ह्या संकेतस्थळाचेर करची, फाल्या ४ जुलैयाकसांवन ते २७ जुलैमेरेन नावनोंदणी करपाची मुजत असतली अशे आयोजकांनी कळीत केला.

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **27.** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान **22.8** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले 6 दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक **30** ते **40**किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग **50** किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दर्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला